Panaji national 22.5.2025 at 6.30pm

मोदी

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांणी राजस्थान सरकारच्या २५ महत्त्वाच्या राज्य सरकार प्रकल्पांची बुन्याद घाली उक्तावण केले आणि लोकार्पण केले हाका लागुन राज्यात मुळाव्यो सुविधा, संपर्क, वीजपुरवण, भलायकी सेवा आणि उदकाची उपलब्धता वाडटली. बिकानेर आणि उदयपूरात वीज प्रकल्पांचे उक्तावण लेगीत प्रधान मंत्रयान केले. ' ताणी राजसमंद, प्रतापगड, भिलवाडा, धोलपूर हांगा नर्सिंग कॉलेजीचे उक्तावणय केले जे राज्यातली भलायकी सुविधा वाडोवपाक महत्त्वाची भूमिका निभायतले. १८ राज्यां आणि केंद्रशासित प्रदेशांमधल्या ८६ जिल्ह्यांत १०३ पुनर्विकसित अमृत स्टेशनाचे उक्तावणुय ताणी केले.

Jeetendra

भारताच्या ध्रुवीय आनी दर्या संशोधन क्षमतेक महत्त्वपूर्ण चालना दितना गोंयांतल्या नॅशनल सेंटर फॉर पोलर अँड ओशन रिसर्च (NCPOR) हांगा आयज ध्रुवीय भवन आनी सागर भवनाचें उक्तावण पृथ्वी विज्ञान आनी विज्ञान आनी तंत्रज्ञान राज्यमंत्री जितेंद्र सिंग ह्यांच्या हसतुकी जाले. महासागर आणि हवामान बदलाच्या भू-राजकीयतेर जागतिक लक्ष केंद्रित करून, मंत्र्यांनी भारताच्या "ब्लू इकॉनॉमी" क मुखार व्हरपाक आणि खोल महासागर मोहिमेक तेको दीवपाक NCPOR ची धोरणात्मक भूमिका तांनी अधोरेखित केली.

रश्मि

आमच्या भारत देशाकडे गिरेस्त संस्कृताय तशेच इतिहासिक दायज आसा, तशेंच प्राचीन आर्युवेद उपचार पध्दत, गणितशास्त्र, खगोलशास्त्र, वास्तुशास्त्र, वेगवेगळी

कला , कुशळटाय हातुन भारत जागात पयल्या पावंड्यार आसा. ह्या खाशेलपणाक लागुन जग भारताकडे सन्मानान पळयता. आनी हाकाच लागुन जण एक भारतीयान हे दायज सांभाळून दवरपाची गरज आसा अशे मत उप राश्ट्रपती जगदीप धनखर हांणी उकतायले.

उप -राश्ट्रपती जगदीप धनकार हांच्या हस्तुकी चिकीत्सेचे जनक आचार्य सुश्रुत तशेंच आर्युवेदाचे जनक आचार्य चरक हांच्या पुतळ्याचे आयज अनावरण जाले. तशेच वामन वृक्ष कला उद्यान ह्या 1008 बोन्साय झाडा आशिल्लया जारदीनचे उक्तावण जाले. बोन्साय ह्या झाडा प्रकाराचो जनक जपान न्ही जाल्यार आसा अशे राज्यपाल पी. एस श्रीधरन पिल्लय हांणी सांगले.

आर्युवेदा केन्सर तशेंच किडणेच्या दुयेसांचेर मात करपाची ताक आसा, ही उपचार पध्दत फुडारात गोंयोच्या सगळ्या हॉस्पिटलांनी सरकार गोंयकारांक उपलब्ध करुन दितले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार सांगले.

उपरांत उप राश्ट्रपती जगदीप धनखर हानी आयसीएआर-सेंट्रल कोस्टल एग्रीकल्चरल रिसर्च इन्स्टिट्यूट (CCARI) हांगाच्या शास्त्रज्ञ आनी शेतकारां कडेन संवाद सादताना शेतकारांच्या भुमिकेंत मुळावो बदल करपाचो उलो मारलो . पिकाच्या उत्पादनापरस मुखार पुराय शेतकी मोल साखळीची मार्केटींग ते मोल जोडप मेरेन मालकी घेवची आणि तळागाळांतल्यान नवनिर्माण आनी अर्थीक उदरगत चालीक लावपी "शेतकी उद्देजक" हांची गरज आसा हाचेर भर दिलो. Byte

स्पोर्ट्स

जर्मनीत सुहल हांगा सुरू आशिल्या आंतरराष्ट्रीय शूटिंग स्पोर्ट फेडरेशन (ISSF) ज्युनियर वर्ल्ड कप सर्तीत नेमबाज कनकान भारताक पयले भांगरा पदक मेळोवन दिले . फाटल्या वर्सा लिमात जाल्या ज्युनियर वर्ल्ड चॅम्पियनशिपात रुपयापदक विजेत्या कनकान बायलांच्या १० मीटर एअर पिस्तूल फायनलीत २३९ गुण मेळयले . ताणे दोन वेळा ऑलिंपियन आणि सध्याच्या युरोपियन चॅम्पियन मोल्दोव्हाच्या अॅना डल्सेक १.७ गुणांनी फाटी उडयले. चिनी तैपेईच्या चेन येन-चिंगान कांस्य पदक जिंकले.